**Panaji Regional 28th February 2025 7.25am**

**सुशांत 150**

**गोंयांतल्या पारंपारिक कार्निवालाचे एक भाग जावन आशिल्ल्या जमिनीवेल्या खेळांक काल सावन सुरवात जाली. काल  राय हांगाच्या सेंट तेरेसा हायस्कुलांत नामनेचे तियात्र कलाकार झेवियर द मायणा हांच्यो तीन पार्ती सादर जाल्यो. गोंयांतलो पारंपारिक कार्निव्हल  शेनवारा १ मार्चसावन सुरु जातलो. गोंय तियात्र अकादमीन हयो पार्ती पुरस्कृत केल्ल्यो. तियात्र अकादमीचे अध्यक्ष अँथनी बार्बोझा हांणी हे जमनीवयले खेळ शाळेच्या विद्यार्थ्यांमेरेन पावचे आनी तातूंतल्यान उर्बा घेवन विद्यार्थ्यांनी अशा खेळांनी आनी तियात्रांनी वांटेकार जावचे हया उद्देशान हे खेळ आयज विद्यालयात सादर केल्यात अशें सांगलें. अंदू सुमार ४० खेळांचे पंगड आपले तियात्र घेवन तयार आसात.**

**गणेश 120**

**म्हाविद्यालयांतल्या विद्यार्थ्यांक विशयाचेर अतिरिक्त तशेंच वेवसायीक गिन्यान मेळचें हया हेतून आतां सरकारी म्हाविद्यालयांनी तज्ञ आनी वेवसायीकांचीं व्याख्यानां जातलीं. हे खातीर उच्च शिक्षण संचालनालयान पात्र मानेस्तांची नेमणूक करतले. उपरांत व्याख्यात्यांची खाशेली वळेरी तयार करतले. हे वळेरेतले मानेस्त वेगवेगळ्या म्हाविद्यालयांनी व्याख्यानां दितले. बँकींग, वेपार, उद्देग, फार्मासी, आयटी, संगणक, पर्यावरण मळार तशेंच वेगवेगळ्या प्रकल्पांत धा वर्सां काम करपाचो अणभव आशिल्ले अधिकारी वा तज्ञ व्याख्यानां दिवपाक पात्र आसात. ते खातीर तांकां उच्च शिक्षण संचालनालयात अर्ज करुन सविस्तर म्हायती दिवची पडटली. ज्या व्यक्तींनी एका विशयांत डॉक्टरेट (पीएच.डी.) पदवी मेळयल्या आनी त्या विशयांत खाशेलें योगदान दिलां ती व्यक्तीय व्याख्यानां दिवपाक पात्र थारता. फकत तांणी प्रमाणपत्रां वा योगदानाचे दाखले सादर करप गरजेचें. इत्सूक उमेदवारांनी प्रमाणपत्रां सयत 12 मार्चा मेरेन उच्च शिक्षण संचालनालयाच्या कार्यालयांत अर्ज सादर करचो, अशें कळयलां.**

सुशांत 80

फाटल्या कांय वर्सांनी मडगाव पालिकेन आपल्या करांनी कसलीच वाड करुंक नाशिल्ली. ते फांटभुंयेचेर अंदू वर्सा कांय करांनी दहा ते पंदरा टक्के वाड जावं येता. मडगावचे नगराध्यक्ष दामोदर शिरोडकार हांणी ही म्हायती दिली.

मडगाव पालिकेची रोखडीच अदमास पत्रकी बसका जावपाची आसा. त्याआदी आर्थिक बाबींचो नियाळ घेवपाखातीर काल पालिकेन खाशेली बसका आपयिल्ली. ते बसकेत हो विचार मुखार आयला अशें शिरोडकार हांणी सांगलें.

मडगाव पालिकेन घरपट्टी करात कसलीच अदीक वाड करपाचो निर्णय घेवंक ना. मात जे लोक घरपट्टी भरनात तांकां १२ टक्के व्याज लावपाचो निर्णय घेतला अशी म्हायती शिरोडकार हांणी दिली.

गणेश/Rashmi 180

गोंय सरकाराच्या पर्यटन खात्यान राज्यांतल्या वेगवेगळ्या सुवातांचेर बीच शॅकांच्या कामाची अचकीत तपासणी केली. हे तपासणेंत गोंय शॅक धोरणाचे नेम पाळिनाशिल्ल्याचें उक्ताडार आयलां. हातूंत शॅक भाड्याक दिवपाच्या घडणुकांचोय आसपाव आसा. हाका लागून नेम मोडिल्ल्यांक कारणां नोटीस दिल्या. हे तपासणे मजगतीं, अधिकाऱ्यांक फकत उत्तर गोंयांत वट्ट ८० नेम मोडिल्ल्याची प्रकरणां मेळली . जातूंत शॅक भाड्याक दिवपाचोय आसपाव आसा. गोंय शॅक धोरणा खाला ह्या शॅकांक नोटीस धाडल्यात. जाल्यार दक्षीण गोंयांत १९ शॅक्सांनी नेम मोडल्यात. शॅकांनी जावपी बेकायदेशीर प्रकार उक्ताडार हाडपा खातीर आनी धोरणाचे नेम पाळटा काय ना हें निश्चीत करपा खातीर ही तपासणी केली.

रश्मि 85

अध्ययन आनी अनुभुती घेवन वास्तविक जग आनी वेगवगळे प्रसंग समजुन घेतल्यार खुपशे प्रस्न सुटावे जावक शकता हाची देख स्वामी विवेकानंन्द हांणी संसाराक दील्या.

**आयची पिळगी हुशार आसा मात तांका सगळे रोखडेच जाय,मेहनत,जिद्दीन ध्येय मेळोवपाची उमळशीक तांच्या मदी कमी दीसता,हे सगळे प्रत्येकान आपल्या आत्मविस्वासाचेर विस्वास कमी दवरील्यांन जांवक लागला अशे मत कन्याकुमारी स्वामी विवेकानंन्द केंद्राची उपाध्यक्ष पद्मश्री निवेदीता भिडे हांणी व्यक्त केला.ती 14 व्या डी.डी कोसंबी विचार महोत्सवात स्वामी विवेकानंन्दाचो संदेश ह्या विशयाचेर उलयताली. ह्यावेळार निवेदीता भिडे हिणे स्वामी विवेकानंन्दची वैचारीक स्पश्टता,अंतरीक मुल्यांचे महत्व , आत्मीयता,अध्यात्मीक परंपरेची जाण,हे वीशी म्हायती दीली.**

**ISL – 35**

**इंडियन सुपर लीग फुटबॉलांत काल नवी दिल्लीत जवाहरलाल नेहरू स्टेडियमांत एफसी गोंवान पंजाब एफसीचो १-० असो पराभव केलो.**

**एफसी गोवा 4 मार्चाक मोहम्मदन एससी आड खेळटलो, जाल्यार पंजाब एफसी 6 मार्चाक हैदराबाद एफसी आड खेळटलो.**